आकाशवाणी पणजी

04/07/2025

राष्ट्रीय खबर

6.30 PM

राष्ट्रपती द्रौपदी मुर्मू हांणी आयज नवी दिल्लींत डुरंड कप2025 सर्तीच्या ट्रॉफीचें अनावरण केलें. खेळांत शिस्त, निर्धार आनी संघटनात्मक भावना निर्माण जाता.तशेच खेळांत लोकांक, धर्मांक, देशांक एकठांय हाडपाची खाशेली तांक आसा अशें तांणी सांगलें. खेळ हें भारतांत राश्ट्रीय एकात्मतेची भावना निर्माण करपाचे एक बळिश्ट माध्यम जाला अशेंय राष्ट्रपती हांणी सांगलें.

त्रिनिदाद आनी टोबॅगोंतल्या मूळ भारतीयांच्या सव्या पिळगेतल्या नागरिकांक आतां ओव्हरसीज सिटीजन ऑफ इंडिया (ओसीआय) कार्डां मेळटलीं, जाका लागून तांकां भारतांत कसलेच निर्बंध नासतना रावपाक आनी काम करपाक मेळटलें अशें प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी आयज जाहीर केलें. आयज सकाळीं त्रिनिदाद आनी टोबॅगोंत भारतीय समुदाय मार्गदर्शन करतना ताणी सांगले

जागतीक दक्षिणवंगडा भारताचे संबंद आनीक घटमूट करपाचो हेतान प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी आजय आर्जेन्टिनाक भेट दितले. आर्जेन्टिनाच राष्ट्राध्यक्ष जॅव्हियर मिग्लिया हाच्या आमंत्रणा प्रमाण प्रधानमंत्री आर्जेन्टिनाक भेट दिता. हेवेळार दोनूय देशां मदी सहकार आनी भागीदारी वाडोवपाचे मार्गविशी चर्चा जातली तशेच अर्थीक भागीदारी, खण, उर्जा सुरक्षा आनी अणुऊर्जेचो शांततायेन वापर ह्या मळार कबलाती जातल्यो .

केंद्रीय घरमंत्री अमित शाहा हाणी आयज पुण्यांतल्या राष्ट्रीय संरक्षण अकादेमीच्या आवारांत महान मराठा झुजारी पयल्या पेशवा बाजीरावच्या पुतळयाचें अनावरण केलें.

फाटल्या धा वर्सांत सूक्ष्म, लघु आनी मध्यम उद्देग मंत्रालयान 28 कोटी परस चड रोजगार संद निर्माण केल्यात अशे केंद्रीय मंत्री जीतनराम माझी हांणी सांगलें. जीडीपींत आपलें मंत्रालय 30 टक्के, उत्पादन क्षेत्रांत 35पूज्य 4 टक्के आनी देशाच्या निर्यातींत 45पूज्य 73 टक्के योगदान दिता अशी म्हायती तंणी दिली.

फिट इंडिया संडेज ऑन सायकलाची 30 वी आवृत्ती आयतारा देशभरांतल्या स हजार सुवातींनी रेसिडेन्ट वेलफेअर असोसिएशनांच्या पालवान आयोजीत करतले. प्रदुशण आनी स्थूलताय मुक्त भारता खातीर देशभरांत 50 हजारां परस चड व्यक्ती ह्या कार्यावळींत वाटो घेतले अशी म्हायती युवा वेव्हार आनी खेळां मंत्री मनसुख मांडवीय हांणी सोशल मिडियाचेर केल्ल्या पोस्टांत दिली.

केंद्र सरकार एका सप्तका भितर 2026 वर्साचे हज यात्रेखातीर अर्ज स्वीकारतले अशी म्हायती अल्पसंख्यांक वेव्हार मंत्री किरेन रिजिजू हांणी दिली. सगळया अर्जदारांनी वेळार अर्ज करपाची विनंती तंणी केली तशेच 65 वर्सां वयर आशिल्ल्या यात्रेकरुं वंगडा एक साथीदार आसप सक्तीचें आसा अशें ताणी सांगलें.

तिख्या आनी अवजड उद्देग मंत्री एचडी कुमारस्वामी हांणी भारतांतली व्हडली तिख्या उत्पादक कंपनी स्टील अथॉरिटी ऑफ इंडिया लिमिटेडच्या दुबयंतल्या कार्यालयचे उक्तावण केलें. जें जागतीक विस्तार रणनिती कडेन म्हत्वाचें पावल आसा तशेच तिख्या उद्देगाची संवसारीक उपस्थिती वाडोवपाच्या आनी वर्स 2030 मेरेन 30 कोटी टन राश्ट्रीय तिख्या उत्पादन मेळोवपाच्या भारताच्या ध्येया प्रमाण आसा.

भारतीय हवामान खात्यान फुडल्या सात दिसांत फुडल्या 7 दिसांत वायव्य आनी मध्य भारतांत चड पावस पडपाचो अदमास उक्तायला. तशेच राजस्थान, मध्य प्रदेश, महाराष्ट्र, ओडिशा, गोंय आनी कर्नाटकात उटगाराच्या पावसाखतीर ऑरेंज अलर्ट जारी केल्या.

भारताचे किदम्बी श्रीकांतान हाणे कॅनडा ओपन सुपर श्री हंडरेड बॅडमिंटन सर्तीत दादल्यांच्या एकोट्या गटाच्या क्वार्टर फायनलींत पावल घाला.

भारत आनी इंग्लंड हांचे मदीं चालू आशिल्ल्या बायलांच्या टी-20 पांच खेळामळेतलो तिसरो खेळ आयज लंडनांतल्या ओव्हल मैदानाचेर भारतीय वेळा प्रमाण राती 11:05 चेर सुरू जातलो .